**<u>मुख्यमंत्र्याकडल्यान गोंयच्या लोकांक दिवाळीची परबीं</u>**

ता. 13 नोव्हेंबर 2020

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी गोंयच्या लोकांक दिवाळी उत्सवाच्या शुभ प्रसंगार हुनहुनीत परबीं भेटयल्या.

मुख्यमंत्री आपल्या संदेशात म्हणटा, दिवाळीचो उत्सव म्हळ्यार उजवाडान काळखाचेर, सद्‌गुणांनी वायट प्रवृत्तीचेर, अपेक्षांनी निराशेचेर आनी गिन्यानान अज्ञानाचेर मेळयिल्ल्या जैताचे प्रतिक जावन आसा. दिवाळी उत्सव मनीस जातीखातीर आशा-अपेक्षांचे प्रतीक जावन आसा. दिवाळीचो उत्सव सगल्यांप्रती दया-माया, शांतीकायेचो आत्मिक उत्साह, मोग आनी एकात्मते खातीर म्हत्वाचो आसा.

कोवीड म्हामारीक लागून ह्या उत्सवाचेर कांय प्रमाणात सांवट आयिल्ले आसा, पुण ह्या म्हामारीच्या संकश्टातल्यान आमी हळुहळु सावरत आसात. यशाच्या मार्गाआड येवपी प्रत्येक अडचणीचेर मात करपाक ह्या ईश्वरी उत्सवा पासून आमकां सगळ्यांक ताकद मेळू, अशी हांव प्रार्थना करता.

दिवाळीचो ईश्वरी उजवाड प्रत्येकाच्या जीणेत शांतीकाय, भरभराट, खुशालकाय, बरी भलायकी आनी यश घेवन येव, अशें मुख्यमंत्री आपल्या संदेशात म्हणटा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2020/682